**व्ही. एम. साळगांवकार कायदो म्हाविद्‌यालयान मनयलो सुवर्ण महोत्सव**

पणजीः 21 डिसेंबर 2023

मिरामारच्या व्ही. एम. साळगांवकार कायदो म्हाविद्‌यालयाच्या कॉन्फरन्स हॉलांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीक भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाचे विद्‌यमान न्यायाधीश,न्यायमुर्ती श्रीमती बी. व्ही. नागरत्ना आनी गोंयांतल्या मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश श्री. महेश सोनक हांणें ह्या सुवाळ्याक मानेस्तांक येवकार दिलो.

ह्या म्हत्वाच्या कामगिरीचेर उजवाड घालतना न्यायमूर्ती श्रीमती बी. व्ही. नागरत्ना हांणी 70% परस चड बायलो विद्‌यार्थी आशिल्ल्या म्हाविद्‌यालयाची तोखणाय केली. आयच्यो बायलो कायद्‌यांत उत्कृश्ट आसात, समाजीक नेम मोडून यश मेळयतात हें लक्षांत घेवन तिणें परिवर्तनकारी बदलाचेर भर दिलो. न्यायमूर्ती नागरत्नान हिणें कायदेशीर शिक्षणा खातीर म्हाविद्‌यालयाच्या योगदानाची आनी विद्‌यार्थ्यांची कारकीर्द घडोवपा खातीर दिल्ल्या कटिबद्‌धतायेची तोखणाय केली. तशेंच विंगड विंगड प्रकरणांचेर आनी निवाड्‌यांचेर तिणें चर्चा करून समजावन सांगलें.

न्यायमूर्ती श्री. महेश एस. सोनक हांणें कायदेशीर वेवसायांत लिंग समानता समाजीक वृत्ती आनी अपेक्षा बदलपाचें आवाहन केलें. निश्ठेन यश मेळोवप शक्य आसा हाचेर भर दितना तांणें विद्‌यार्थ्यांक कश्ट करपाचें प्रोत्साहन दिलें.

श्री. देवी शर्वणी एज्युकेशन सोसायटीच्या व्ही. एम. साळगांवकार कायदो म्हाविद्‌यालयाचे अध्यक्ष दत्तराज व्ही. साळगांवकार हाणें महाविद्‌यालयाच्या प्रवासा विशीं सांगलें.

डॉ .किम रोचा कुतो हांणें फाटल्या 50 वर्सांतले संस्थेचे म्हत्वाचे टप्पे उजवाडाक हाडपी एक सर्वसमावेशक वेळापत्रक सादर केलें.

कार्यावळीचें सुत्रसंचालन डॉ .श्रुती कामत दलाल हीणें केलें, जाल्यार प्राचार्य डॉ. जी. शबेर अली हांणें उपकार मानले.

ह्या सुवाळ्याक व्ही. एम. साळगांवकार कायदो म्हाविद्‌यालयाचे यश आनी वाढ जावपा खातीर हातभार लावपी प्राध्यापक आनी विद्‌यार्थी हाजीर आशिल्ले.

डीआय/आयएनएफ/पीएन/यूबी/2023/

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.